**Panaji national 29.06.2025   6.30pm**

मान की बात

भलायके सावन समाजीक सुरक्षा मेरेन देश दर एका मळार संतृप्तीची भावना घेवन मुखार वता, जें समाजीक न्यायाचेंय एक व्हड चित्र आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी स्पश्ट केलां. सध्या भारतांतली चडशी लोकसंख्या एका वा दुसऱ्या समाजीक संरक्षण फायद्याचो फायदो घेता अशें तांणी सांगलें.

आयज आकाशवाणीच्या मान की बात कार्यावळींत आपले विचार सांगतना श्री मोदी हांणी आंतरराष्ट्रीय कामगार संघटनेच्या आय एल ओ अहवाला विशीं उलयलें, जंय भारतांतल्या 64 टक्क्यां परस चड लोकांक आतां कांय समाजीक संरक्षण फायद्याचो वा दुसऱ्याचो फायदो निश्चीतपणान मेळटा असो उल्लेख केला.

डब्ल्यू. एच. ओन भारत ट्रॅकोमा मुक्त जाहीर केल्ल्याचोय उल्लेख प्रधानमंत्री मोदीन केलो, हो रोग अथकपणान, विराम नासतना झुजपी लाखांनी लोकांच्या कश्टाचो परिणाम अशें म्हणलें.

आणीबाणी विशीं उलयतना प्रधानमंत्री हांणी म्हणलें, भौशीक सहभागाच्या बळग्यान व्हडल्या संकश्टांक तोंड दिवंक मेळटा, तांणी सांगलें, फकत कांय दिसां आदीं देशाचेर आणीबाणी लादपाचीं 50 वर्सां पुराय जालीं आनी देशांतल्या लोकांनी संविधान हात्या दिवस पाळ्ळे अशें श्री मोदी हांणी सांगलें.

ह्या म्हयन्याच्या 21 तारखेक मनयल्ल्या आंतरराष्ट्रीय योग दीसाचो उल्लेख करतना श्री मोदी हांणी सांगलें, , चडांत चड लोक आपल्या दिसपट्ट्या जिणेंत योग आपणावपाक लागल्यात.

तीर्थयात्रे विशीं उलयतना श्री मोदी हांणी कैलाश मनसरोवर यात्रा, अमरनाथ यात्रा, आनी जगन्नाथ रथ यात्रा हांचे विशीं उल्लेख केलो..श्री मोदी हांणी सांगलें, आसामांतलो बोडोलँड आयज देशांत नव्या अस्मितायेन उबो रावता. ताणें सांगलें, थंयच्या तरणाट्यां कडेन जी उर्जा आनी आत्मविस्वास आसा, तो फुटबॉल मैदानाचेर दिसता.

भारताच्या प्रादेशिक, भाशीक आनी संस्कृतीक विविधतायेचो उल्लेख करून श्री मोदी हांणी कला, हस्तकला आनी कुशळटाय हांचीय विविधताय देशाची एक व्हड गूण आसा अशें म्हण्टा, संवसारांत अशा उत्पादनांची मागणी नेटान वाडत आसा अशें प्रधानमंत्र्यान नदरेक हाडलें.

ओम बिर्ला

फाल्यां धर्मशाळांतल्या तपोवन हांगा राष्ट्रकुल संसदीय संघटनेच्या झोन-2 च्या वर्सुकी परिशदेचें उक्तावण लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला करतले. ह्या वाठारांत दिल्ली, हरियाणा, हिमाचल प्रदेश, जम्मू-काश्मीर, पंजाब राज्यांचो आस्पाव जाता.

लोकशाय संस्था घटमूट करपाक, उत्तम पद्दती वांटपाक आनी समकालीन युगांत शासन आनी कायदे कार्यावळीचे अभिनव पद्दती सोदून काडपाक एक म्हत्वाचो मंच म्हूण काम करपाचो हे परिशदेचो

हेत आसा.परिशदेचो विशय असो आसा – डिजिटल युगांत बरो शासन: संसाधन वेवस्थापन, लोकशायेची राखण करप, आनी नवनिर्माण आपणावप. संसदीय लोकशाय घटमूट करपाखातीर संसद सदस्यांक एकठांय हाडपी सीपीए ही संवसारीक संघटना.

अहमदाबादांत

अहमदाबादांत हालींच जाल्ल्या एअर इंडिया विमान अपघाताची चवकशी विमान अपघात तपास ब्युरो (एएआयबी) करतले अशें नागरी विमान राज्य मंत्री मुरलीधर मोहोल हांणी सांगलां.पुण्यांत खाजगी खबरां चॅनलाच्या कार्यावळींत उलयतना मंत्रीमंडळान मात स्पश्ट केलें की ह्या पांवड्यार आतंकवादाच्या कोनाचो संकेत मेळना. तशेंच एअर इंडिया विमानाची एआय 171 विमानाची ब्लॅक बॉक्स मेळ्ळ्या आनी ती सध्या एएआयबी कडेन आसा आनी विश्लेशणा खातीर देश भायर धाडचे नात अशें तांणी सांगलें. फाटल्या म्हयन्यांत जाल्ल्या ह्या अपघातांत 274 जाणांचो जीव गेलो-बोटीचेर आनी जमनीचेर. बोटींतल्या 242 प्रवासी आनी कामगारांतलो फक्त एकलो जिवो उरलो.

आय एम डी चे

सादारण तारखेच्या णव दीस आदीं आयज पावसाळ्यान पुराय देश व्यापला. आकाशवाणी न्यूजा कडेन उलयतना आयएमडीचे भारत हवामान खात्याचे महासंचालक मृत्युंजय मोहपात्रा हांणी सांगलें, 8 जुलयाच्या अपेक्षीत तारखे परस नैऋत्य पावसाळ्यान पुराय देश

व्यापला. राष्ट्रीय राजधानी दिल्लींतय पावसाळो पावला आनी फुडल्या दोन दिसांत शारांत हळुवार ते मध्यम पावस पडटलो अशें तांणी सांगलें.डॉ. डॉ मोहपात्रा हांणी सांगलें, फुडल्या दोन दिसांत मध्य भारत आनी वायव्य भारताचेरूय व्हड ते व्हड पावसाची क्रिया जावपाची शक्यताय आसा.